# राज्य शिक्षक पुरस्कार 2017-18 खातीर अर्ज

ता. 7 ऑगस्ट 2018
16 श्रावण 1940

शिक्षण संचालनालयान राज्य शिक्षक पुरस्कार 2017-18 खातीर विहित नमुन्यातल्यान अर्ज मागयल्या. राज्य सरकारान उत्कृश्ट शिक्षकांखातीर 10 राज्य पुरस्कार जाहिर केल्यात. रोख रू.1 लाख आनी मानपत्र अशे प्रत्येक पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

मुळाव्या शिक्षकाखातीर दोन (प्रत्येक जिल्हयाखातीर एक), माध्यमिक शिक्षकांखातीर चार (प्रत्येक जिल्हयाखातीर दोन), हायस्कूल मुख्याध्यापक दोन (प्रत्येक जिल्हयाखातीर एक), उच्च माध्यमिक शिक्षक (संबंद राज्याखातीर एक) आनी उच्च माध्यमिक प्राचार्य (संबंद राज्याखातीर एक) पुरस्कार दितले. पुरस्काराखातीरचे अर्ज शिक्षण संचालनालयाच्या प्रशासकीय विभाग-3 हांगा ता. 10 ऑगस्ट 2018 मेरेन पावपाक जाय, उपरांत आयिल्ले अर्ज विचारात घेवचे नात.

आवश्यक शिक्षणिक आनी वेवसायिक पात्रता आशिल्ले सेवेतले खंयचेय शिक्षक अर्ज करपाक पात्र आसात. 30 जून 2017 दिसा शिक्षकांक फकत गोंय राज्यात शिकोवपाच्या नियमित सेवेत 20 वर्सां पुराय जाल्ली आसपाक जाय. शिक्षक ज्या केडरात काम करतात त्याच केडरात पुरस्काराखातीर अर्ज करपाक शकता. संस्थेचे मुखेली शिक्षक आशिल्ल्यान तेवूय पुरस्काराखातीर अर्ज करपाक पात्र आसात. निवृत्त शिक्षक आनी जे शिक्षक चालू शालेय वर्सात निवृत्त जावपाचे आसात, अशे शिक्षक अर्ज करपाक पात्र नात. शिक्षकांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर 50 टक्के पुरस्कार 45 वर्सां पिराये सकयल्या शिक्षक/मुखेल्याक दितले.

पात्र शिक्षकांनी आपले अर्ज शाळा वेवस्थापन समितीच्या शिफारसीसयत विभागीय शिक्षण अधिका-याच्या कार्यालयामार्फत शिक्षण खात्याक धाडचे. चड म्हायतीखातीर वळी-शर्वील.सेरऽपळल.ळप या संकेत थळाचेर पळोवचे.